# राष्ट्रीय युवा पुरस्कार

पणजी, ऑगस्ट २३, २०१८

भाद्र, १,१९४०

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान २०१६-१७ वर्साच्या राष्ट्रीय युवा पुरस्कारा खातीर युवा उदरगतीच्याक्षेत्रांत प्रशंसनीय कार्य केल्ल्या सक्रीय आनी कामगिरी करपी व्यक्ती आनी स्वयंसेवी संस्थां कडल्यान अर्ज मागयल्यात. भलायकी, संशोधन आनी नवीन उपक्रम, संस्कृती, मनीस हक्कांचो प्रसार, कला आनी साहित्य, पर्यटन, पारंपारीक वखदां, सक्रीय नागरिकत्व, समुदायीक सेवा, खेळां आनी शिक्षणीक उत्तीर्ण आनी स्मार्ट शिकवण ह्या क्षेत्रांनी राष्ट्रीय उदरगत आनी समाज सेवेंत उत्कृश्ट भुमिका केल्या. १५ ते १९ वर्सां मदले तरणाटे व्यक्तीगत पुरस्कारा खातीर अर्ज करुंक शकतात.

पात्रते खातीरचे हेर संबंदीत नेम आनी अटी, अर्ज नमुनो www.dsya.goa.gov.in ह्या खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या संकेतस्थळार उपलब्ध आसात. इत्सुक तरणाट्यानी तो डाऊनलोड करुन वा कांपाल – पणजीहांगासल्ल्या खेळां आनी युवा वेवहार संचालनालयाच्या युवा विभागाचे एपीईओ श्रीमती लिसेट कामरा हांच्या कडल्यान ३सप्टेंबर २०१८ पयली कार्यालयीन कामकाजाच्या वेळांत अर्जाचो नमुनो मेळवचो.

पात्र युवा/स्वयंसेवी संस्थांनी प्रमाणपत्रां सयत पूराय भरिल्लो अर्ज कांपाल – पणजी हांगासल्ल्या क्रीडाआनी युवा वेवहार संचालनालयाच्या कार्यालयांत ४ सप्टेंबर २०१८ पयली सादर करचो.

४ सप्टेंबर २०१८ उपरांत आयिल्ले अर्ज स्वीकारचे नात.